**Panaji national news 22.02 2026, 6.30pm**

**मान की बात**

फुडाराक संवसार एआयच्या शक्तीचो कसो उपेग करतलो हाचे प्रक्षेपवृत्तांत भारत एआय इम्पॅक्ट समिट हो एक वळणदार बिंदू थारला असो अभिमान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज उक्तायलो. आकाशवाणीचेर केल्ल्या मान की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना प्रधानमंत्रीन जायत्या देशांतले फुडारी, उद्देग फुडारी, नवनिर्माण करपी, आनी स्टार्टअप क्षेत्रा कडेन संबंदीत लोक नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत एआय इम्पॅक्ट समिट खातीर एकठांय आयले अशें उक्तें केलें. संवसारीक फुडारी आनी टेक सीईओ मेळपाची संद मेळ्ळ्या अशें तांणी सांगलें.एआय समिट प्रदर्शनांत संवसारीक फुडाऱ्यांक असंख्य गजाली दाखयल्यो अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. तांणी खासा करून अमूल बूथ आनी प्रदर्शना वेळार सुश्रुत संहिताचें प्रदर्शन सांगून दोन उत्पादनांनी संवसारभरांतल्या फुडाऱ्यांक खूब प्रभाव घालो अशें सांगलें. पयलें उत्पादन अमुलाच्या बूथाचेर जालें अशें तांणी सांगलें. तातूंत एआय जनावरांचेर उपचार करपाक कशी मजत करता आनी शेतकार 24×7 एआय मजतीच्या आदारान आपल्या दुदाचो आनी जनावरांचेर कसो हिशोब दवरतात तें स्पश्ट केलें.दुसरें उत्पादन देशाचे संस्कृताये कडेन संबंदीत आसा अशें श्री मोदी हांणी सांगलें. भारत एआयच्या आदारान पुर्विल्ले ग्रंथ, गिन्यान आनी हातबरपा कशे सांबाळटा तें पळोवन संवसारभरांतले फुडारी अजापीत जाले अशें तांणी सांगलें. प्रदर्शना वेळार सुश्रुत संहिता दाखोवपा खातीर वेंचून काडली अशें तांणी विस्तारान सांगलें. पयल्या पांवड्यार भारत तंत्रगिन्यानाच्या आदारान हातबरपांची प्रतिमा गुणवत्ता कशी सुदारता आनी तीं वाचपासारकीं करतात तें दाखयलें. दुसऱ्या पांवड्यार हे प्रतिमेचें मशीन वाचपाक येवपी मजकूरांत रुपांतर केलें. फुडल्या पांवड्यार मशीन वाचपाक येवपी मजकूर एआय अवतारान वाचलो. निमाण्या पांवड्यार हें अमूल्य भारतीय गिन्यान भारतीय आनी परकी भाशांनी कशें अणकारीत करूं येता तें दाखयलें अशें प्रधानमंत्री हांणी सांगलें. आर्विल्ल्या अवताराच्या माध्यमांतल्यान

भारताच्या पुर्विल्ल्या गिन्याना विशीं जाणून घेवपाची संवसारीक फुडाऱ्यांनी व्हडलीशी आवड दाखयली अशें तांणी सांगलें.

**नमो भारत**

मेरठांतल्या शतबदी नगर नमो भारत स्टेशनाचेर आयज दनपारां प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी मेरठ मेट्रो आनी नमो भारत रेल्वेक ध्वजचिन्न दितले. तशेंच मेरठ साउथ स्टेशन मेरेन मेट्रो रायड हातांत घेतले. ते उपरांत श्री मोदी मेरठांत सुमार 12,930 कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण आनी राष्ट्राक समर्पित करतले. तशेंच ह्या निमतान ते मेळाव्यांक संबोधीत करतले.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी पुराय 82 किलोमीटर लांब दिल्ली-मेरठ नमो भारत कॉरिडोर राष्ट्राक समर्पित करतले. भारतांतल्या पयल्या नमो भारत प्रादेशिक रॅपिड ट्रांझिट सिस्टीम (आरआरटीएस) च्या उरिल्ल्या विभागांचें उक्तावण ते करतले. byte

**भारत आनी ब्राझीलान**

भारत आनी ब्राझीलान टपाल क्षेत्रांतल्या सहकार्या विशीं समन्वय पत्राचेर स्वाक्षरी करून टपाल सेवांनी द्विपक्षीय सहकार्य घटमूट करपाचे दिकेन म्हत्वाचें पावल थारलां. संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंडिया आनी ब्राझीलाचो संचारण मंत्री फ्रेडरिक द सिकेरा फिल्हो हांणी भारतांतल्या राज्य भेटी वेळार ह्या एमओयूचेर स्वाक्षरी केल्या. सुरवातीच्या पांच वर्सां खातीर ही एमओयू चालीक उरतली, आपोआप नूतनीकरण करपाची तजवीज आसतली अशी म्हायती संचारण मंत्रालयान दिल्या. उपरांत दोनूय देशांच्या कायदे आनी नेमा प्रमाण ही एमओयू चालीक लायतले अशें तातूंत म्हणलां.